पणजी आकाशवाणी

15 - 05 - 2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30

*प्रधानमंत्री नुसतेमारी 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज एक ऊंचेल्या पांवण्यावेली बसका जाली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज नुसतेमारी मळाच्या विकासाविशी आनि फुडारातल्या येवजण्याविशी म्हायती घेवपाखातीर बसका घेतली. ही बसका खोल दर्यातली नुसतेमारी आनि सागरी अन्न निर्यातीचेर केंद्रित आसली. केंद्रीय नुसतेमारी वेवसाय मंत्री राजीव रंजन सिंग आनि वडील अधिकारी ह्या बसकेंत हाजिर आसले.

*राजनाथ सिंग काश्मीर 238

फाटल्या जायत्या दशकासावन पाकिस्तान आनि पाकव्याप्त जम्मू आनि काश्मीरातल्यान निर्यात जावपी दहशतवादाक आतंकवादाक भारतान दिलली जाप म्हळ्यार ऑपरेशन सिंदूर आसा अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज सांगले.लष्कराच्या १५ व्या कॉर्प्स बदामी बाग छावणीत जवानांकडेन उलयताना संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी ऑपरेशन सिंदूर करताना भारतीय सशस्त्र दळानी दाखयल्या शौर्याची , आनि बारीकसाणेन केलल्या कामाची तोखणाय केली. आमची आवय म्हणजे भारत माता आनी तिचे रक्षण करपाखातिर जवानांनी दाखयल्या धाडस, वचनबद्धतायेचो,सशस्त्र दळांचो देशाक अभिमान आसा अशे ताणी मुखार सांगला .

पाकिस्तानान भारताक कशे तरेन धमकी दिल्या ते पुराय संवसारान पळयला अशे ताणी सांगले. पाकिस्तानच्या हातात आशीलल्या अण्वस्त्रांच्या सुरक्षिततायेचेर

ताणी प्रश्नचिन्ह तयार केले आनि, पाकिस्तानची अण्वस्त्रा आंतरराष्ट्रीय अणुऊर्जा संस्थेच्या म्हळयार IAEA च्या नदरेमुखार आसपाक जाय अशे ताणी मुखार सांगला.

Rajnath Singh Byte 26 sec

२२ एप्रिल दिसा जाल्या पहलगाम हल्ल्याक जाप म्हूण भारतान पाकिस्तान आनि पाकव्याप्त काश्मीरमदल्या दहशतवादी तळांक लक्ष्य करपाखातिर ऑपरेशन सिंदूर सुरू केल्याउपरांत जम्मू आनि काश्मीराक संरक्षण मंत्र्यांची ही पयलीच भेट आसा.

ऑपरेशन सिंदूरात सैनिकांनी दाखयल्या धाडस आनि त्यागावीशी देशातल्या लोकांनी केलली तोखणाय आनि परबी सैनिकांक दिवपाखातीर आपुण श्रीनगरांत आयला अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी दहशतवादाआड भारताचे विचार, नदर, दृष्टिकोन स्पष्टपणान व्यक्त केला अशे ताणी मुखार सांगले. चर्चा आनि आतंकवाद हातांत हात घालून वांगडा वचू शकनात आनि पाकिस्तानाकडेन फुडारांत कसलेच तरेन चर्चा जावची ना ,जालिय जाल्यार ती फकत पाकव्याप्त जम्मू-काश्मीर आनि आतंकवादावीशी आसतली अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगले.

*अजय कुमार सोपूत 87

निवृत्त भारतीय प्रशासकीय सेवा अधिकारी आनि आदले संरक्षण सचिव अजय कुमार हाणी आयज केंद्रीय लोक सेवा आयोगाचे म्हळयार यू पी एस सी चे नवे अध्यक्ष म्हूण सोपूत घेतलो. काल राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी डॉ. अजय कुमार हांची यूपीएससीचे म्हळयार केंद्रीय लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष म्हणून नियुक्ती केली.

*तिरंगा यात्रा 69

देशभरान्त सद्दया तिरंगा यात्रा सुरू आसा. जायत्या राज्यांनी तिरंगा यात्रा सुरू आसा. जयपुरान्त आयज तिरंगा यात्रा काडली. ओपरेशन सिंदूर हातून्त मेळील्ले येस मनोवपाखातीर ही तिरंगा यात्रा काडली. आयज श्रीनगरांत लेगित तिरंगा यात्रा काडली. ओपरेशन सिंदूर आनि ओपरेशन सिंदूराच्या यशाचो देशाक गर्व आनि अभिमान आसा. ह्या ओपरेशन सिंदूरातली जवानांची, सैनिकांची, भारतीय लष्कराची आनि सेना दळाची कामगिरी देशातल्या लोकांखातिर उरबादेणी थारल्या. सेना दळाचो मान आनि भोवमान करपाखातिर ही तिरंगा यात्रा काडल्या.

*भारतीय हवामान 55

भारतिय हवामान खात्यान उत्तर उदेन्त भारत, आंध्र प्रदेश, अस्तंत बंगाल, आनी सिक्किमांत फुडल्या 5 दिसांत गडगडासयत उटनगाराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा अशे सांगला.

फुडल्या 2-3 दिसांत अस्तंत राजस्थान आनी बिहारात उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा अशे आकाशवाणी खबरा विभागाकडेन उलयतना भारतीय हवामान खात्याचे वडील शास्त्रज्ञ अखिल श्रीवास्तव हाणी सांगलां .

*खेलो इंडिया बास्केटबॉल 16

चलयांच्या बास्केटबॉलाच्या निमण्या खेळांत कर्नाटकान हरियाणाचेर जैत जोडले आनि खेलो इंडिया ह्या सरतींतले आनिक एक भांगरा पदक जिखले.